**पणजी म्हापालिका वेंचणूक**

**सोरो विक्री आस्थापनां बंद दवरपाचो आदेश, सोरो येरादारीचेर निर्बंध**

ता. 2 मार्च 2026

पणजी म्हापालिकेच्या 30 प्रभागां खातीर 11 मार्च 2026 दिसा मतदान जावपाचे आसून सरकारान मतदान दीस आनी मतमेजणीच्या फांटभुंयेर पणजी म्हापालिका वाठारांतली सगळीं सोरो विक्री आस्थापनां, दुकांना, बार्रां ता. 10, 11 आनी 13 मार्च 2026 दिसा बंद दवरपाचो आदेश दिला. बार्र आनी रेस्टोरंट परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले. बार्र काऊंटर बांद दवरचो पडटलो आनी वयल्या दिसांनी सोरो विकपाक मेळचो ना.

तशेंच वयल्या दिसांनी म्हापालिका वाठारांतली खंयचीय व्यक्ती आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्या सयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली आनी 650 एमएलच्यो स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाक शकतली वा आपल्या लागी बाळगुपाक शकतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/152

--
----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.